24th June 2026

8.40am

मुखेल खबरो

- ब्रिक्स देशांनी आतंकवाद, सायबर धोके सयत जागतीक सुरक्षा आव्हानांक फुडो करपाखातीर, घटमूट सहकार्याचो उलो मारलो.

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांकां कतारच्या अमीरान फोन करून, कतारांतल्या रास लफ्फान शारांत जाल्ल्या अपघातांत, १२ भारतीय नागरिकांक मरण आयिल्ल्याचेर दुख्ख उक्तायलें.

- पाकिस्तान व्याप्त काश्मीरांच्या परिस्थितीविशी, पाकिस्तानान केल्ल्या विधानाचेर भारतान खर टिका केल्या. ही टिप्पणी पाकिस्तानान स्वताच्या अपेसांक धुकलपाक आनी मानवी हक्कांच्या उल्लंघना पासून नजर चुकोवपाक केल्या, अशे भारतान म्हळां.

- फिफा विश्वचषकांत, पोर्तुगालान उझबेकिस्तानाक पांच आड शून्य असो हारयलो.

- फुडल्या दोन दिसांत महाराष्ट्र, छत्तीसगड आनी मध्य प्रदेशांतल्या कांय वाठारांनी नैऋत्य मॉन्सून आनीक फुडें सरपा खातीर, परिस्थिती अनुकूल आसा, अशें भारतीय हवामान खात्यान सांगलां.

आता पुराय खबरो

ब्रिक्स

राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार आनी ब्रिक्स राश्ट्रांच्या वरिश्ठ सुरक्षा अधिकाऱ्यांनी आतंकवाद, सायबर धोके सयत जागतीक सुरक्षा आव्हानांक फुडो करपाखातीर, घटमूट सहकार्याचो उलो मारलो. भारतान राष्ट्रीय राजधानींत आयोजीत केल्ले उंचेल्या पावड्यावेल्या बसकेंत हेविशीं चर्चा जाली. भारताच्या एन.एस.ए अजीत दोवाल हांच्या फुडारपणा खाला जाल्ले, सोळावे ब्रिक्स राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार बसकेंत, वांगडी देशांतल्या वरिश्ठ सुरक्षा

प्रतिनिधींनी  एकठांय येवन, आंतरराष्ट्रीय समुदायाक तोंड दिवपी पारंपारीक आनी नव्या धोक्यांचेर चर्चा केली.

पीएम कतार अमीर -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांकां कतारचे अमीर, शेख - तमीम - बिन - हमद - अल - थानी हाचो फोन आयिल्लो. आयतारा कतारांतल्या रास लफ्फान उद्देगीक शारांत जाल्ल्या अपघातांत, भारतीय नागरिकांक मरण आयिल्ल्याचेर कतारच्या अमीरान दुख्ख उक्तायलें आनी जखमी लोक बेगीन बरे जावचे, अशी इत्सा उक्तायली.  प्रधानमंत्री मोदी हांणी बाधित कुटुंबां विशीं सहानुभूती दिवपी उतरां खातीर, तांचे उपकार मानले. तशेंच दोनूय फुडाऱ्यांनी आपल्या नागरिकांची सुरक्षीतताय सुनिश्चीत करपा खातीर, आपली वचनबद्धताय दाखोवन आदार दिलो. अस्तंत आशियांतल्या परिस्थितीचेर चर्चा करतना, प्रधानमंत्री मोदी हांणी चालू आशिल्ल्या शांतताय यत्नांत कताराच्या रचनात्मक भुमिकैची तोखणाय केली.

पीओके पाकी -

पाकिस्तान व्याप्त काश्मीरांतल्या परिस्थितीचेर, पाकिस्तानाचे संरक्षण मंत्री ख्वाजा आसिफ हांणी केल्ल्या विधानाचेर भारतान खर टिका करताना सांगलां की, ही टिप्पणी शेजारच्या देशान, स्वताच्या अपेसांक धुकलपाक आनी मानवी हक्कांच्या उल्लंघना पासून नजर चुकोवपाक केला. नवी दिल्लींत मिडियाक संबोधीत करतना, मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जयसवाल हांणी सांगलें, कि नवी दिल्ली हे कल्पित दावे, खरपणान न्हयकारता.

Doval

राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार अजित डोवाल हाणी, नवी दिल्लीत सुरू आशिल्ल्या 'ब्रिक्स' देशांच्या राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागारांच्या, १६व्या बसके निमित्तान चर्चा केली. या बसकेत स्थिर आणि विधायक द्विपक्षीय संबंध, भारत आनी चीन देशांक विश्वास आनी परस्पर समजीकाय वाडोवपाक मदत करतले, हाचेर डोवाल हाणी भर दिलो.

नीती आयोग अहवाल -

फाटल्या तिमाहींत भारताच्या वट्ट वेपारांत 5 पूज्य 4 टक्क्यांनी वाड जाल्या, अशें नीती आयोगाचे उपाध्यक्ष डॉ. अशोक कुमार लाहिरी हांणी सांगलां. नवी दिल्लींत ट्रेड वॉच त्रैमासिक अहवालाची निमाणी आवृत्ती प्रकाशित करतना, डॉ लाहिरी हांणी हि म्हायती दिली. भारताची निर्यात 1 पूज्य 84 ट्रिलियन डॉलर मेरेन पावल्या आनी फाटल्या तिमाहींत आयात 6 पूज्य 5 टक्क्यांनी वाडल्या अशें, तांणी सांगलें. अस्तंत आशियांतल्या परिस्थिती विशीं उलयतना तांणी हें संकश्ट तात्पुरतें आशिल्ल्याचे सांगून, रोखडीच संवसारांत शांतताय निर्माण जातली, अशी आस्त उक्तायली.

Sitharaman

देशाची अर्थवेवस्था घटमूट करपा खातीर, उदरगतीची गती वाडोवपा खातीर आनी समावेशी उदरगत सुनिश्चीत करपा खातीर, सगळ्या भागधारकां मदीं चड सहकार्य गरजेचें, अशें अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी सांगलां. नवी दिल्लींत जाल्ले ‘ग्लोबल कन्व्हर्जन्स फॉर ग्रोथ’ ह्या परिशदेंत, मंत्री सीतारामन हाणी व्हर्च्युअली संबोधित केले. संवसारांतल्या आव्हानांक तोंड दिवपा खातीर, सामुहीक जागतीक कृती करपाची गरज आसा, हाचेर तिणें भर दिलो. भारताची वाड मुखेलपणान देशी मागणीक लागून जाता, अशें अर्थमंत्र्यांनी सांगलें. सहभागी जाल्ल्यांत आंतरराश्ट्रीय चलन निधी वांगडाच, जी-7 राश्ट्रांचे तशेंच भारत, ब्राझील, चीन, केनिया, दक्षिण कोरिया ह्या देशांचे प्रतिनिधी आशिल्ले.

PM Nation First -

'राष्ट्र पयली म्हळ्यार' (Nation First) हे तत्व, भारताच्या वेगान वाडपी विश्वसनीय आणि भरवशाच्या जागतिक शक्तीत जावपी परिवर्तना फाटले मुखेल प्रेरणास्थान आसा, अशे नवी दिल्लीत एका खाजगी प्रसारमाध्यम संस्थेन आयोजित केल्या, शिखर परिषदेत उलयताना प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हणले. फाटल्या दसकात देशाच्या यशाची बुन्याद विश्वास, स्थिरता आणि व्यापक जागतिक हिताकडे आशिली कटिबद्धता हाचेर आधारील्ली आसा, अशे ताणी म्हणले.

सरकारच्या १२ वर्षांच्या कार्यकाळाचेर उजवाड घालताना ताणी म्हणले की, 'स्वच्छ भारत', 'मेक इन इंडिया', खादीक प्रोत्साहन आणि थळाव्या उत्पादनांक तेंको यांसारखे उपक्रम यशस्वी झाले, कारण नागरिकांनी राष्ट्रनिर्मितीची भावना स्वीकारली. परवडपी घरां, कर सुधारणा, भलायकी सेवा योजना आणि सुधारित शारी मुळाव्या सुविधांचो उल्लेख करत तांणी गरिबांक आणि मध्यमवर्गीयांक सक्षम करप, ही मुखेल प्राथमिकता आशिल्याचे सांगले.

Tamilnadu C Joseph -

तमिळनाडू सरकारान "वेत्री थमिझा-गम" व्हिजन दस्तावेजाक मान्यताय दिल्या. दस्तावेजा खाला एक मुखेल उपक्रम म्हणल्यार "थाई-मामन थांगा मोथिरा थित्तम", म्हळ्यार 'मामाची भांगरा रिंग येवजण'. हे येवजणे खाला तमिळनाडूंत कायमस्वरूपी रावपी कुटुंबांतल्या नवजात भुरग्यांक, एक ग्राम भांगराची मुदी भेटयतले, पूण प्रसुती सरकारी हॉस्पिटलांत जावपाक जाय. राज्य सरकारान पुराय तमिळनाडूंत ताच्या प्रसारणा खातीर, वर्सुकी अर्थसंकल्प 755 पूज्य 83 कोटी रुपया थारायलां. हे येवजणे खातीर बेगोबेग निविदा आपोवपाचे निर्देश, मुख्यमंत्री सी. जोसेफ विजय हांणी दिल्यात.

NAFED Shah –

केंद्रीय गृह आणि सहकार मंत्री अमित शाह हाणी सांगले की, 'नॅशनल ॲग्रिकल्चरल को-ऑपरेटिव्ह मार्केटिंग फेडरेशन ऑफ इंडिया लिमिटेड' म्हळ्यार NAFED, देशातल्या सुमार ७४ लाख शेतकऱ्यांक मदत करता. नवी दिल्लीत 'अटल अक्षय ऊर्जा भवनात नाफेडच्या 'NAFEX.in' या लिलाव पोर्टलचे उक्तावण करताना ते उलयताले. राष्ट्रवाद, सांस्कृतिक राष्ट्रवाद आणि भारतीय संस्कृतीचे पुरस्कर्ते म्हणून मंत्री शहा हाणी, डॉ. श्यामा प्रसाद मुखर्जी हांची तोखणाय केली.

फिफा वर्ल्ड कप -

2026 फिफा विश्वचषकांत, अमेरिकेंतल्या ह्यूस्टनांत जाल्ल्या के गटांत, पोर्तुगालान उझबेकिस्तानाक पांच आड शून्य असो हारयलो. 41 वर्सां पिरायेच्या क्रिस्टियानो रोनाल्डोन, दोन गॉल केलें. रोनाल्डो आपल्या गोलांनी स, वेगवेगळ्या विश्वचषक सर्तींनी गोल करपी पयलो खेळगडो थराला. ताका 'मॅच ऑफ द मॅच' फावो जालो.

IMD -

फुडल्या दोन दिसांत महाराष्ट्र, छत्तीसगड आनी मध्य प्रदेशांतल्या कांय वाठारांनी नैऋत्य मॉन्सून आनीक फुडें सरपा खातीर, परिस्थिती अनुकूल आसा, अशें भारतीय हवामान खात्यान सांगलां. हवामान खात्यान फुडल्या तीन दिसांत कर्नाटक, कोंकण आनी गोंयात व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास काडला. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण आयज आसाम, मेघालय, मध्य महाराष्ट्र, ओडिशा, उप हिमालयन अस्तंत बंगाल, सिक्किम आनी तेलंगना हांगा व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा. मजगतीं, उदेंत मध्य प्रदेश, उदेंत उत्तर प्रदेश आनी विदर्भांत फाल्यां मेरेन, उश्णताय ल्हारांची परिस्थिती पातळपाची शक्यताय आसा.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- ब्रिक्स देशांनी आतंकवाद, सायबर धोके सयत जागतीक सुरक्षा आव्हानांक फुडो करपाखातीर, घटमूट सहकार्याचो उलो मारलो.

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांकां कतारच्या अमीरान फोन करून, कतारांतल्या रास लफ्फान शारांत जाल्ल्या अपघातांत, १२ भारतीय नागरिकांक मरण आयिल्ल्याचेर दुख्ख उक्तायलें.

- पाकिस्तान व्याप्त काश्मीरांच्या परिस्थितीविशी, पाकिस्तानान केल्ल्या विधानाचेर भारतान खर टिका केल्या. ही टिप्पणी पाकिस्तानान स्वताच्या अपेसांक धुकलपाक आनी मानवी हक्कांच्या उल्लंघना पासून नजर चुकोवपाक केल्या, अशे भारतान म्हळां.

- फिफा विश्वचषकांत, पोर्तुगालान उझबेकिस्तानाक पांच आड शून्य असो हारयलो.

- फुडल्या दोन दिसांत महाराष्ट्र, छत्तीसगड आनी मध्य प्रदेशांतल्या कांय वाठारांनी नैऋत्य मॉन्सून आनीक फुडें सरपा खातीर, परिस्थिती अनुकूल आसा, अशें भारतीय हवामान खात्यान सांगलां.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले, आयज सांजे ६ वरा जावन ३० मिनटांचेर. नमस्कार!